०८०९२०२५ ७.20 pm

- 25 सप्टेमबराक विधानसभेचो नवो सभापती वेचपाक राज्यपालांनी एका दिसाचे खासा अधिवेशन आपयला
- फाटलीं 39 वर्सां सतत चालू आशिल्ल्या बुधवार पेठ गणेशोत्सव मंडळा वरवीं गणेशोत्सव मनयतात देखून विविधतायेंतल्यान एकवट हाडटा म्हणून फोंणेचे आमदार आनी शेती मंत्री रवी नायक हांणी तोखणाय केल्या
- म्हार्दोल हंगाच्या नायक फुलकार समाजाची 112वी आनी जायांची पुजा फाल्यां म्हार्दोळा श्री म्हालसा देवीच्या सभा मंडपांत मनयतले
- राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू यांनी आज नागरिकाक परत एकदा भारताक जागतिक व्यवसाय आणि ज्ञानाचे केंद्र करपाचे आवाहन केले.

युरी 60

25 सप्टेमबराक विधानसभेचो नवो सभापती वेचपाक राज्यपालांनी एका दिसाचे खासा अधिवेशन आपयला. हे फाटभुयेर विरोधी पक्ष आपलो उमेदवार आसतलो काय असो प्रश्न विरोधी पक्ष फुडारी युरी आलेमाव हांका पत्रकारांनी केलो.ते वेळार विरोधी पक्षाचो उमेदवार आसतलो आणि ते खातीर विरोधी पक्षाची बसका जावन फाव तो निर्णय घेतले अशे आलेमाव हाणी सांगले. विरोधी पक्षांन आपलो उमेदवार संबधित वेचनुके खातीर थारावप हो लोकशायेचो अधिकार आसा अशे ते उलयले

प्रसाद 140

फोंणेच्या बाजारांतले वेगवेगळे धर्मांचे वेपारी एकठांय येवन बुधवार पेठ गणेशोत्सव मंडळा वरवीं गणेशोत्सव मनयतात देखून विविधतायेंतल्यान एकवट हाडटा म्हणून ह्या उत्सवाक खाशेलें म्हत्व आसा. फाटलीं 39 वर्सां सतत चालू आशिल्ल्या मंडळाचें काम तोखणायेचें आसा अशें फोंणेचे आमदार आनी शेती मंत्री रवी नायक हांणी सांगलें. वयलो बाजार बुधवार पेठ गणेशोत्सव मंडळाच्या इनामां वांटप सुवाळ्यांत ते मुखेल सोयरे म्हणून उलयताले.ह्या वेळार माचयेर नगरसेवक रुपक देसाय, मंडळचे सचीव प्रशील शेठ पारकर आनी हेर मानेस्त हाजीर आशिल्ले. ह्या मंडळाचे बेतोडां फोंडा हांगा आपलें गणेश देवूळ आसा आनी मंडळाचे सगळे वांगडी ह्या खातीर परबींक पात्र आसात अशें सांगून फुडल्या वर्सा जावपी 40व्या उत्सवा खातीर मंत्री रवी नायक हांणी शुभेच्छा दिली. मंडळान आयोजीत केल्ले सिने नृत्य

सर्तीत आनी वेशभूषा सर्तीत जैतिवंत जाल्ल्यांक मानेस्तांनी इनामां भेटयली. शंकर नायक हांणी येवकार दिलो आनी कार्यावळीची वळख करून दिली. मिलिंद म्हाडगुत हांणी कार्यावळीचें सूत्रसंचालन केलें, जाल्यार प्रशिल पारकारान उपकार मानले.

गोयल 120

वाणिज्य आनी उद्देग मंत्री पीयूष गोयल हांणी वेवसायांनी स्वदेशी उत्पादनांचेर लक्ष केंद्रीत करपाचेर भर दिला, कारण हाका लागून भारताचे विकासाकच मजत जातलीच पूण देशाची अर्थीक सुरक्षीतताय घटमूट जातली. आयज नवी दिल्लींत जाल्ल्या 56व्या ईईपीसी इंडिया राष्ट्रीय पुरस्कार सुवाळ्यात उलयताना गोयल हानी सांगलें,कि जागतीक परिस्थितींत आव्हानां निर्माण जालीं तरी भारत एक राष्ट्र म्हणून एकवटीत आसा. तशेंच 15 ऑगस्टाक प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हानी  देशी उत्पादनां खातीर स्पश्ट उलो मारला, तातूंत तांणी नवनिर्माणाचें म्हत्व अधोरेखित केल्लें असोय उगडास तांणी केलो. देशांतले 1.4 अब्ज लोक, वेवसाय आनी वेपार मेड इन इंडिया उत्पादनांचेर लक्ष केंद्रीत करपाक जाय अशें गोयलान सांगलें. देशाची तांक वेपार आनी देशांतल्या वेवसायांची फाटीचो कणो आशिल्ल्या एमएसएमई क्षेत्राचेर आदारून आसा अशेंय तांणी स्पश्ट केलें. जीएसटीचे दर उणे करून आनी सोपे करून प्रधानमंत्री मोदी हाणी  देशांतल्या मागणीक चालना दिल्या अशें मंत्र्यान   सांगलें.

सुभाष 90

सायबर गुन्यांवाक आळाबंद हाडपा विशीं आनी सोशल मिडिया कसो वापरचो  हाचे विशीं म्हायती मेळोवपा खातीर शाळा आनी उच्च माध्यमीक विद्यार्थ्यांक मार्गदर्शनाची गरज वळखून गोंय राज्य शिक्षण, प्रशिक्षण आनी संशोधन संस्थेन सगळ्या शाळां खातीर सायबर सुरक्षा जागृताय कार्यावळ घडोवन हाडपाचे येवजिला. सरकारी तशेंच अनुदानीत माध्यमीक आनी उच्च माध्यमीक शाळां खातीर ही कार्यावळ वर्सभर सुरू आसतली. सायबर वॅलनेस केंद्र पणजी राज्यांतल्या सगळ्यां माध्यमिक शाळां खातीर सायबर जागृताय कार्यावळी आयोजीत करपाचे निर्देश दिल्यात. हे येवजणेचो लाव घेवन गोंयच्या एससीईआरटीची     संचालक मेघना शेटगांवकार हांणी शाळांच्या मुख्याध्यापकांक आनी प्राचार्यांक आपापल्या शाळांनी सायबर वेलनेस जागृताय सत्रां घडोवन हाडपाचें आवाहन केलां.

मुर्मू 45

राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू यांनी आज नागरिकाक परत एकदा भारताक जागतिक व्यवसाय आणि ज्ञानाचे केंद्र करपाचे आवाहन केले. कोविड काळात आत्मनिर्भर भारता खातीर घाल्ली बुन्याद सतत यशस्वी जात अशे ताणी म्हणले. Byte

जागतिक अस्थिरतेचा राष्ट्रीय अर्थव्यवस्थेर कमीत कमी परिणाम जाणवतलो अश्या आत्मनिर्भर भारताची एक महत्त्वाची परिमाणा आसची, अशेय ताणी म्हळे byte

प्रसाद 75

म्हार्दोल हंगाच्या नायक फुलकार समाजाची 112वी आनी जायांची पुजा फाल्यां मंगळारा 9 सप्टेंबराक म्हार्दोळा श्री म्हालसा देवीच्या सभा मंडपांत मनयतले. अंदू जायांचया फुलांनी सजयल्ल्या नौका वाहनांत श्री सत्यनारायण पुजा जातली. सांजवेळा 7 वरांचेर पुजा सुरू जातली आनी उपरांत पूजन, पुराण आनी ओंकार चारी आनी धनश्री गडगिल फडके आनी वांग्डी कलाकारांची कार्यावळ आसतली. त्या उपरांत श्री सातेरी घुमट आरती मंडळ म्हापसा घुमट आरती सादर करतले आनी उपरांत तीर्थप्रसाद, ब्राह्मण संतरपण जावन उत्सव सोंपतलो अशी म्हायती नाईक फुलकार समाजान दिल्या.

राजेश 25

साखळी नगरपालिकेचे उपनगराध्यक्ष आनंद काणेकर हाणीआयज आपल्या पदाचो राजीनामो दिलो. समजीकायेच्या कबलाती प्रमाण आपणे आपल्या पदाचो राजीनामो दिला अशे आनंद काणेकर हाणी सांगले.कांय दिसानी या पदाखातीर वेचणूक जातली.

सुशांत 70

कोकणी साहित्याच्या मळार प्रतिष्ठेचो पुरस्कार अशी नामना आशिल्लो डॉ. टी एम ए पै फाऊंडेशन पुरस्कार अंदू वर्सा नामनेचे कोकणी कवी उदय म्हांबरो आनी आर. एस. भास्कर हांच्या पुस्तकांक जाहीर जाल्यात.गोयचे नामनेचे कवी उदय म्हांब्रो हांच्या 'काळीज उसवलां' या कविता झेल्याक जाल्यार केरळ हांगाचे म्हालगडे

कवी आर. एस. भास्कर हांच्या ' चैत्र कविता ' ह्या झेल्याक हो पुरस्कार फावो जाला . १० हजार रुपया रोख आनी मानपत्र अशा स्वरूपाचो हो पुरस्कार आसा.

स्पोर्ट्स 85

कुंकळ्ळी युनियनान घडोवन हाडिल्ले पयल्या अखील गोंय मेन्शन हावज कप फुटबोल सर्तींत एफ सी शिवोली पंगडान कुडतरी पंगडाचेर पेनल्टी शुट आवट वरवीं ४/१ गोलानी जैत मेळयता सर्तीचें वस्तादपण जोडलें.थारायल्ल्ये वेळेंत दोनूय पंगड २/२ गोलानी बरोबरींत आशिल्ले.कुडतरी पंगडावतीन एन्सलेम फेर्नांडीस, हानी दोन जाल्यार शिवोली वतीन गौरव वायगणकार आनी पुष्पराज मांद्रेकार हाणी गोल केल्लें.खेळबरोबरींत उरिल्ल्यान निकाल पेनल्टी शुट आवट वरवीं जालो तेवेळार शिवोली पंगडान ४/१ गोलानी जैत मेळयलें.सर्तींत जोन्सन भगत,विदेशी सावंत,मयूरेश नायक,जेम्स फेर्नांडीस, आनी पुष्पराज मांद्रेकार हांकां मुखेल सोयरे खेळा मंत्री रमेश तवडकार आनी युरी आलेमांव हांचे हस्तुकीं खाशेली इनामां भेटयलीं.

हवामान   60

पणजी वेधशाळेन नोंद केल्या प्रमाण पणजेत कमाल तापमान 30.8 डिग्री सेल्सिअस नोंद जाला तर किमान 25.2 डिग्री सेल्सिअस नोंद जाला. वारे वराक 45 ते 55 किलो मिटर वेगान व्हावतले ताचो वेग 65 किलोमीटर इतलो वाडू येता देखून नुसते मारानी हे काळात खोल दऱ्यांत वचचे न्ही अशे वेधशाळेन कळीत केला. राज्यात फुडले काय दिस काय वाठरांनी हलको ते मध्यम   प्रमाणात पावस पडू येता अशे वेधशाळेन कळीत केला